गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>मनोहर पर्रीकर स्मृती स्थळाखातीर पायाभरणी</u>**

ता .१३ डिसेंबर २०१९

२२ मार्गशीष १९४१

गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार हांचे स्मृती स्थळ उबारपा खातीर आयज मिरामार हांगा पायाभरणीचो कार्यक्रम जालो. सर्गेस्त पर्रीकर हांची आयज जयंची आनी त्या निमतान साबार कार्यावळींचे आयोजन केल्ले.

सुरवातीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळातले वांगडी आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत सर्गेस्त मनोहर पर्रीकरांच्या उगडासाक पुष्पांजली ओपली.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी म्हणले, गोंय हे भांगराळे राज्य करपा खातीर आमी सगळ्यांनी एकवटान काम करून सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांचे सपन साकार करपाक जाय आनी ही तांका खरी आदरांजली थारतली. सर्गेस्त पर्रीकर हांणी आपल्या राजकीय जीणेत राज्यातल्या लोकांच्या कल्याणा खातीर अनेक येवजणांची अंमलबजावणी केली. राज्याच्या विकासा खातीर तांणी अनेक म्हत्वाचे प्रकल्प उबारले, ताणी प्रत्येक मळार म्हत्वाचे योगदान दिल्ले आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

ह्या वेळार पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो, विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन मंत्री श्री. मायकल लोबो, उदकास्त्रोतमंत्री श्री. फिलिप नेरी रॉड्रिग्स, भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक प्रभू पावसकर. आमदार श्री. आतानासियो मोन्सेरात, श्री. जोशुआ डिसौझा आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

मुख्यसचिव श्री. परिमल राय, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका, सरकारी खात्याचे मुखेली, अधिकारी आनी नागरीकय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ८५९

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA